**30 मे दिसा गोंय घटक राज्य दीस सुवाळो**

ता. 27 मे 2022

सोमार ता. 30 मे 2022 दिसा 35 वो गोंय घटक राज्य दीस मनोवपात येतलो. सकाळी 11.00 वरांचेर दोनापावला हांगा राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या सुवाळयाक गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हे मुखेल सोयरे आसतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय संस्कृती, पर्यटन आनी उत्तर-पुर्व क्षेत्र विकासमंत्री श्री. जी.किशन रेड्डी हे मानाचे सोयरे आसतले.

ह्या सुवाळयात विंगड विंगड मळार उत्कृश्ट योगदान दिल्ल्या मानेस्तांचो सत्कार जातलो. सत्कामुर्तीमदीं गोंयच्या 12 आदल्या मुख्यमंत्र्यांचो आस्पाव आसतलो.

ह्या वेळार गोंय घटक राज्य दिसाचेर ऑडिओ व्हिज्युअल फिल्म दाखोवपात येतले. तशेंच हेर कार्यक्रम सादर करपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/369

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji